गोड, गोड गीतां - २
(बालगीतां)

मनोहरराय सरदेसाय

SHETH
PUBLISHERS PVT. LTD.

गोड, गोड गीतां - २

(बालगीतां)

मनोहरराय सरदेसाय

Price : Rs. 12/-

SHETH
PUBLISHERS PVT. LTD.
Educational Publishers
"PALLAV-KUNJ", Borda, Margao, Goa
✆ 23436

इल्लोसो म्हजो सोंसो
कापसाची गुटली कसो,
दिसूयभर तण खाता
तरीय पापी वसवसो.

– आरे, आरे कोल्या
कोली खंय गेल्या ?
– सांगतां तुज्या कानांत
कोली गेल्या रानांत.



बुकी मामा, बुकी मामा,
रांदची कुडींत कसलीं कामा
कावळे काका, कावळे काका,
क़ातली म्हजी चोरूं नाका.
कोंबये बाये कूक, कूक,
पिलांक तुज्या लागल्या भूक.

काळे, कोंगरे केंस गो तुजे
मोगऱ्यांवरी दांत,
गोरे, गोरे पोले तुजे
गोरे, गोरे हात.
गोरी, गोरी मान तुजी
गोरे, गोरे पांय,
कितलें बरें बाय म्हजें
कितलें बरें बाय.

II-Poem

हांव पिसोळें, हांव पिसोळें
निळें, निळें, निळें,
हांव पिसोळें, हांव पिसोळें
भोळें, भोळें, भोळें.
उडूंक, उडूंक, दी गो म्हाका
धरूं, धरूं नाका,
उडूंक उडूंक दी गो म्हाका
घरा व्हरूं नाका



बाबली म्हजें नांव गा
शाबली हाचें नांव,
आमी दोगूय भाव गा
आमचो बोरी गांव.
आमचो बोरी गांव गा
(शेतां – भाटांचो)
आमच्या गांवां पावलो जाल्यार
आमच्या घरा यो.



एक आसलो कोलो
ताका चाबली मूय,
हुयेल मारीत कोलो गेलो :
“कूय, कूय, कूय.”

—खंय गे वेता म्हातारे
इतले फांतोडे ?
—बुकलो म्हजो पळून गेला
शेजरा भितोडे.



आमचो बापूय पणजे गेला
हाडूंक बोमाडे,
आमची आवय करता हुमण,
घालून आमाडे.

वाजता धोल, वाजता धोल
ढूम, ढूम, ढूम,
म्हण्टा घुंगुर, म्हण्टा घुंगर
छूम, छूम, छूम,
वाजता झांज, वाजता झांज
झन, झन, झन,
नाचता बाबू, नाचता बाबू
छन, छन, छन.

यो गे चिमणे
आमच्या घरा यो यो,
यो गे चिमणे
आमच्या घरा यो.
आमच्या घरा चणे खा
बरे बरे दाणे खा,
चणे खा, दाणे खा
दाणे खा, चणे खा
खा, खा, खा, खा
यो गे चिमणे
आमच्या घरा यो यो,
यो गे चिमणे
आमच्या घरा यो.

यो रे बुकल्या
आमच्या घरा यो यो,
यो रे बुकल्या
आमच्या घरा यो.
आमच्या घरा मेमें खा
बरें, बरें शितू खा,
मेमें खा, शितू खा
खा, खा, खा, खा
यो रे बुकल्या
आमच्या घरा यो यो,
यो रे बुकल्या
आमच्या घरा यो.

II-Poem

म्हजी बावली, म्हजी बावली
म्हजी बावली गुणाची,
म्हजी बावली, म्हजी बावली
म्हजी बावली म्हजी ती.
गुणी बावली, शाणी बावली
शाणी बावली कोणाची ?
म्हजी बावली, म्हजी बावली
म्हजी बावली, म्हजी ती.

म्हजो बावलो, म्हजो बावलो
म्हजो बावलो गुणाचो,
म्हजो बावलो, म्हजो बावलो
म्हजो बावलो म्हजो तो.
गुणो बावलो, शाणो बावलो
शाणो बावलो कोणाचो ?
म्हजो बावलो, म्हजो बावलो
म्हजो बावलो, म्हजो तो.

—हूप, हूप माकडा
खंय रे आशिल्लो ?
—तुमच्या आंब्यार पिकल्या आंबे
खावंक बशिल्लों.
—हूप, हूप माकडा
शेंपडी तुजी लांब,
—अर्र तूं ! वेतां तोडूंक
पोर्तुगाली जांब.

हातांत कितें ?
म्हाका दाखय.
कावळे काका
मारता झोंपय.
गोडा – भोबो
कोणें व्हेलो ?
कावळे काका
उडून गेलो.

II-Poem



देवा सायबा पाव गा
देवा सायबा पाव,
आमी सगलीं भुरगीं
भैणी आनी भाव.
आमी मोगान मेळचीं
आमी मोगान खेळचीं,
आमच्या हांशान भरचो
सगलो आमी गांव.
देवा सायबा पाव गा
देवा सायबा पाव.

आमचो कुतूलो गे बाये
बाबूक खेळयता,
आमचो बाबूलो गे बाये
कुतूक चाळयता.
आमचो कुतूलो गे बाये
बाबूक आपयता,
आमचो बाबूलो गे बाये
पेल्ल लिपयता.

बाबू तुका वाचूंक येना ?
हांव रे शिकयतां,
बाय गो तुका वाचूंक येना ?
हांव गो शिकयतां.
बाबू तुका नाचूंक येना ?
हांव रे शिकयतां,
बाय गो तुका नाचूंक येना ?
हांव गो शिकयतां.

II-Poem

धवे, धवे दांत म्हजे
काळे, काळे दोळे,
गोरे, गोरे पोले म्हजे
पळे, पळे, पळे.
माणकुलेच हात म्हजे
माणकुलीचें मान,
माणकुलेच पांय म्हजे
माणकुलेच कान.

वयर, वयर, वयर बाबू
वयर तुजे हात,
बागय, बागय, बागय बाबू
बागय तुजी फाट.
हालय, हालय, हालय बाबू
हालय तुजी मान,
दोनूय हातान धर रे बाबू
दोनूय तुजे कान.

एक, दोन, तीन
धोलकें वाजय धा धीन,
तीन, चार, पांच
नाच रे बाबू नाच, नाच,
पांच, स, सात
दाखय तुजो हात बाबू
दाखय तुजो हात.
सात, आठ, णव
साकर आनी फोव खा
साकर आनी फोव.

चिमणी घरा पावता
चानी खाला देंवता,
बाबून केली ताता, बाये
बाबून केली ताता.

II-Poem

घण, घण, घांटी
नातलाचे रातीं,
लक, लक, वाती
नातलाचे रातीं,
नाच, नाच, नाच
नातलाचे रातीं.

चिंव, चिंव चिमणी
चिंवचिंवता, चिंवचिंवता,
गितार टिंव, टिंव
टिंवटिंवता, टिंवटिंवता.
गुण, गुण भोंवरो
गुणगुणटा, गुणगुणटा,
झण, झण वारें
झणझणटा, झणझणटा.



कड, कड, कुडूम
घड, घड, घुडूम.
बिजूबाय हांसता
दर्जा गाजता.
तड, तड, तुडूम
घड, घड, घुडूम
विजूबाय नाचता
संवसार हालता.
धड, धड, धुडूम
घड, घड, घुडूम.

मळबांत गडगड
धोलाचो,
मळबांत झगझग
जोगलाचो.
पड, पड, पावसा
पड, पड, पड,
घरार आमच्या
झड, झड, झड.
घोगो आयलो
पावसाचो,
बोंगो हांसलो
साळकाचो.

आगा, आगा, वागा
पावलो कसो हांगा ?
व्हडलें तुजें रान
पांदरो तुजो ल्हान.
खंय रे तुजीं भुरगीं ?
कित्याक असो वोगी, वागा
कित्याक असो वोगी ?



–हुंदीर मामा, हुंदीर मामा
खंय रे आशिल्लो ?
–बुकीबाब न्हिदला घरांत
बिळांत बशिल्लों.

हांव बाये फूल, फूल
शेंवत्याचें,
कोंगऱ्या केंसांत
माळपाचें.
हांव बाये फूल, फूल
मोगऱ्याचें,
भांगरा केंसांत
खोवपाचें.

एक आसली चानी
शिटूक आनी शाणी.
एक आसलो सोंसो
पिसो रे पिसो.
एक आसलो सुणो
अकलेन उणो.
एक आसलो मोर
सामकोच चोर.



पोटरो बावलो
मेजार चडलो
चडटां चडटां
जमनीर पडलो,
पोटरो बावलो
तकलो फुटलो
पोटरो बावलो
रोखडोच उठलो,

उडक्यो मारीत भोंवतां हांव
खातां आंबे, जांब,
शेंपडी म्हजी लांब, बाबू
नांव रे म्हजें सांग.





म्यांव, म्यांव, बुकी, बुकी
भूंक, भूंक कुतू
"धांवता बरो पयलो कोण
तूं काय हांव
हांव काय तूं ?"

डिंग, डाँग
डिंग, डाँग
वाजता घांट
धांव, धांव बाबू
धर म्हजी फाट.
डिंग, डाँग
डिंग, डाँग
वाजली घांट,
बाबून धरली
म्हगेली फाट.

SHETH
PUBLISHERS PVT. LTD.
Educational Publishers
Pallav-Kunj, Borda, Margao,
Goa - 403 601.
✆ 23436